मनमळब

तुकाराम रामा शेट

H090
P→KON
TUK

Donated By:
Fr. Mark Vaddor,
Mudabidri.

Konkani Devanagari in G. Poem Series

000 4090
L: B02 - R 08 (Devanagari)

मनमळब

(कविता संग्रह)

तुकाराम रामा शेट

कोंकण टायम्स पब्लीकेशन

MANMALLOB
(A collection of poems in konkani)
poems by Tukaram Shet

© तुकाराम रामा शेट

पयली उजवाडावणी :
एप्रील २००८

उजवाडावपीः
हिरा तुकाराम शेट
कोंकण टायम्स पब्लीकेशन
वाळकेश्वरवाडो, बेती, बार्देश, गोंय, ४०३१०१
फोन : २४११४१४

अक्षर संयोजन :
कलाकृती,
मधुबन कॉम्प्लेक्स, तांबडी माती,
सांतइनेज, पणजी, गोंय. फोनः २४२६५२६

छापपी :
भवानी ऑफसेट
विरापूर रोड, हुबळी

मुखचित्रः
गौरीश वेर्णेकार

मोल : रु. १२०/-

4090
P->KON
TUK

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No:004090

म्हज्या शाळेतल्या
इश्टा सांगाताच्या भुरगेपणाक ...

जिवितांत दगदगांनी
फुलतल्या फुलपणाक ...

जिवितांत भेटलेल्या
मनशांच्या जिवाळपणाक ...

जिवितांत दिव्यताय
केळोवपी कवितेक ...

WORLD KONKANI CENTRE

D KONK II CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

अदभूतताय, अवकाशत्व, एकसूरपण हाचेसयत जिविताकडे प्रवास करपी तुकाराम रामा शेट हांच्यो ह्यो कविता. चड करून मानवी मनांत आनी संवसारांत अवकाशत्वाचो सोद घेवपी, ... मन आनी मळबाचो नवो वेद रचपी ह्यो कविता.

मांडावळ

तोच हांव/९
मळब भरून/१०
बोंगे दोळे/११
मळब मोने/१२
एक दीस/१३
माळ/१४
धरतरेक भावला मोग मळबाचो/१५
दोळे/१६
दर्याचे मनीस/१७
कवनफुलां/१८
पावसांतल्यो कविता/२०
पाख्याबाबा/२२
देवाचें घर/२३
काळोख/२४
हात/२५
स्राप/२६
देंवचार/२७
मळबाच्यो कविता/२८
मळबखोल/३१
मळब-गर्भाशय/३२
हांव मनमळबांत/३३
आकाश/३४
वस्ती/३५
भूंय, मन आनी मळब/
सर्व अवकाश/३८
कोण तरी/ कितें तरी/३९
सुवात/४०
मळबा/४२
आकाशशिल्प/४३
रात/४४
सांवळी/४५
पिशें/४६
मळबमोर/४७
अखंड ट्युबलायट/४८
रात परमळटा/४९
झेम/५०
आहेर/५१
जाणा मुगो मोगा/५२
वावाच्यो कविता/५४
विजशार/५७
आमी/५८
रातच्या वेळार/६०
बाजार/६१
जिवीत संगीत/६३
गुरवार बायल/६५
लोकशाये घोडो/६६

इदाच्या चंद्राची भेटवण/६८
प्रवाह/७१
घर/७४
मूळ आमी/७६
माये वसुंधरे/७८
सुर्यदिव/७९
आकाश तूं अवकाशा/८०
शेवण्यानो/८१
शिगम्यांतलें सवंग/८२
रोजालीन मांय/८४
म्हज्या भावाचें मर्ण/८६
हांव उलयतां/८९
म्हजें रान/९१
आवय/९३
आवयचे हात/९५
झिळमिळें तळें/९७
दोतोराचो कोट/१०१
सरकारी हॉस्पिटल/१०४
कार्यवळख/१०७

तोच हांव

हें पळय दृश्य रूप
हो मुकूट काडलो
हो कंठमणी, हीं कर्णभुषणां
आनी काडलीं बाहुभुषणां
हें पळय रूप बदलत गेलें
हीं न्हेसणां, पायतणां
कुशीक जालीं
आनी निमाणी
अदृश्य रूप
पूण उल्लों
तोय हांवच
आनी तोच हांव
तोच हांव

मळब भरून

मळब भरून काळोख उल्ला
नखेत्राच्या किर्णान तोलून धल्ला
धरतरेवयलें पाप व्हांवता दर्यांत
रूच जिविताक इल्ल्याश्या पुण्यान
सोबीत पेंलो विखान भल्ला
वोठांक लायताना कृष्णामृत पडलां
कृष्णामृतान वीख कृष्ण जालां
काळोख भरून कृष्ण उल्ला

बोंगे दोळे

गुडूप काळखी दर्या कांठार हांव
हांवें देखले,
बोंगे दोळे विश्वंभराचे
पयस दर्या मळबा कांठार
कितें मागूं?
हांव पळयतच रावलों
फांतोडेर, म्हज्या साळका पोशांत
उजवाडाचे दोळे

मळब मोने

भावा म्हज्या
एक दीस तूं
गेलो मरून,
तुजी पोकळसाण
म्हज्या आंगांत
गेली रिगून

बाप्पा म्हज्या
वर्सांत तुवूंय
वोगी वोगी,
हें वोगीपण
म्हज्या मोनेपणांत
गेलें विरगळून

आई शेणली
मळबा पलतडी
मळब जावन,
आजून ती
म्हज्या एकटेपणाक
आसा वेंगावन

एक दीस

एका दिसाच्या अस्तित्वाची
फांतोड फुट्ट्टा आनी
झिळमिळत वयता
दाट दाट, वितळ विरळ धुंवरी,
धवी सकाळ फुलत वयता

पांचवो निळो
तांबडो हळदुळो,
दनपार चडत वयता

पातळलेल्या शेकान शेक सांज-सांवळ्यांनी
पावलां घुस्पत वयतात
काळखांत शेणतात
काळोख ...
तो कितें
तो ...
तो नाच
तो नाच

माळ

धरतरेन येवकार दिवन व्हापार आयलो
तो माळ कृष्णाची जीण जियेतालो
पांचव्याचार दोंगरार कृष्ण बसलेलो
माथ्यार इंद्रधनुश्याचो तुरो माळलेलो
गोरवांच्या गळ्यांतल्यो घांटी किणकिणताल्यो
व्हाळ यमुनेच्या नांवान पावल्यो मारतालो
अश्या ह्या वेळार पावस शिडशिडतालो
झाडांपेडां वांगडा माळ मळबाक लुंचतालो
निळायेच्या रुपान कोण वेंग मारतालो
माळ रुपांरुपांनी एक कृष्ण जाल्लो

धरतरेक भावला मोग मळबाचो

हांव पळयत आसा तुज्या निळ्या दोळ्यांक
म्हजी तनरी इल्ली लेगीत भंग पावूंक ना
म्हज्या आंबाड्यावयली तुज्या दिकांच्या हातांची
म्हज्या पांचव्या चुड्यांच्या हातांची फाती सोबता
हांव सदीच आसा आशेल्लें तुज्या मोगाक
म्हज्या शिरंतरांतल्यान तो व्हांवता झिरपता
तुजो मोग म्हाकां केन्नाच नाका जावं ना
दर्या न्हयांनी हांवें तो राखून दवरला

दोळे

पावतना निळ्या खोलायेक
दोळ्यांत अशीं मळबां झेलप
तुज्या दोळ्यांच्या रुपकाराक
दोळ्यांनी ह्याय वेंगप

आंकऱ्यो फुटलेल्यो दोळ्यांदोळ्यांक
पळोवन तुजें निळें रूप
निळावंती तुज्या सांगाताक
दोळ्यांत घडलें अशें अप्रूप

दोळे भोगताना आंगा आंगाक
मोरपांखांचे दोळे फुलप
तुज्या म्हज्या पयसपणाक
लागसाराचो अर्थ येवप

दर्याचे मनीस

दर्याच्या ल्हारार आमी, व्हडें सोडूंया
दर्यान मळबाक वेंगायला थंय वचूंया
आमी दर्याचे मनीस, गा दर्याचे मनीस
व्हलयेची गुडी रोयल्या तो आमचो पुरीस
आवखळाची ना भिरांत हें कसलें मोड
न्हेसण वयर खोवन, करूं पालवाचें शीड
व्हडली गा उर्बा, मारूं सातपुरीस बुडी
खराय सोडून काडून, लावूं आमची गुडी
दर्या गा आमकां आंगण, तें आमचें आंग
खरायेतलीं नखेत्रां काडपाक वता म्हुण सांग

कवनफुलां

वड

वडान दिलो सांवळेन भरून
फुडें केल्लो पोसो
जाणा तो आपूण कसो
मुळाखांबलेर. उबो

बुडेली

उडयल्या एकाच फातरान
तुजेर ल्हारां फुलयलीं
भुल्ल्या म्हज्या मनांत
ल्हारां उफाळ्ळीं
पूण, हांव बुडेली
तुजे खरायेकडे घुस्पट्टां !

खारव्याचो दायजी

खारवी सांगतालो आपलें दायज-
'अगस्ती खुबदाळलो तेन्ना
दर्या तेणे पियोन उडयलो
तेच्या आंगांत दर्या एक ल्हार जालें
तो दायजी आसूंक जाय'

सांजराधा राधासांज

सांज अशी दर्यामिळबार निळायेर उदेली
अशी रंगली अशी रंगली आनी सांजावली
राधा जशी यमुनेर रंगपंचमी खेळून तांबशेली
जशी हळदुळली, जशी पांचवेली आनी कृष्णाळली

पावसांतल्यो कविता

१

थंडथंड पावसार
दर्यान्हयांक हुंवार
तरण्याताठ्या उदकार
शेकड्यांनी भंवार

२
जळांमळां थळां थळां
शितळायेन कोंबेल्लीं
पांचव्याचार झाडामुळां
वोठार गितां उबेल्लीं

३
दोन पांवळ्यो
पावसांत भिजता
दोगांयच्या दोळ्यांत
केळीची पानां धोलता

४
पावसवोताची उमाबोची
पांचवीचार शेतां खोशी
भांगरा सपना फाल्यांची
शेतकाऱ्याच्या शेजेकुशी

५.
थेब्यारूपान उदक मळबांतुलें, दर्याक भेटलें
तें चकचकलें आनी अशें लजलें, अशें लजलें
पळोवन हातांत हात कृष्णाच्या, राधा एक सप्नांतली
लजली, अशी लजली, तिणे ताका वेंगूच माल्ली

पाख्याबाबा

पाख्याबाबा पाख्याबाबा, न्हेसण वार कशें हाडलां
कितें म्हण्टा आवयन तुकां, कपयाळें शिवून दिलां
तांबड्या धव्या फुलांच्यो पाकळ्यो तुवें पुंजायल्या
पिकेवयल्या वोतांतसून उट्टे रंग उडत हाडल्या
दोन दोळ्यांचीं वज्रां, थिकां आंगाक लिकलिकल्यां
जमनीर हुळहूळ जगपी कूड, वयर मळबांत जियेल्या
पांखांचे शीड करून जिणे तारूं भोंवडायलां
दोन ल्हान व्हले व्हलोवन मळब हातांनी वेंगायलां.

देवाचें घर

देवाच्या घराक दिकांचीं दारां
सगळ्यांक उग्तीं खंयच्याय पारा
उदकान भल्ल्या दर्यांची झारां
हाताक लागना तांची खरा

चंद्रासुर्या हांची जनेलां
थंयसून मनशाक उजवाड मेळ्ळा
उजवाडान जिवांक नदर दिल्या
उजवाड मेळ्ळ्या ती वस्त उलयल्या

चोंचीत सुकण्यांच्या संगीत दिलां
उतरान मनशांच्या मनाक जोडलां
न्हयच्या उदकान जीव पोसला
वावान हांगा प्राण फुंकला

काळोख

ह्या काळखांतल्या हातांक व्हडली नाखटां आसतात
सुरे चाकू आमच्या धिराक कापून उडयतात
खणितलो हो काळोख आसा सामको गुडूप
आनी हातूंत रावपी आमी
- आमकां सेफ्टी लॅम्प जाय भगभगपी
म्हणजे कांट्या-भंयांनी भरलेली खण सोडूंक मेळटली
आनी मागीर खणीक सुरींग लावंक येता
पूण सुरिंगाच्या पेट्ट्या केणान ही खण
            नदरेक येवंक जाय
मागीर कांट्या-भंयांबगर काळोख थंड दिसतलो
तातुंतली लिकलिकपी नखेत्रां आमचेखातीर आसतलीं

हात

काम करून घट्ट जाल्ले तळवे
आयजवयर हातावयल्या खिणांकूच
आमी धन मानलें
आनी दोन पयशांक घाणाक दवरलें
घाणाक दवरलें कितें
आनी तुटलें कितें दोनय सारकेंच
आनी हात तुटलेल्यांक आपलें भविश्य नासता
पूण आमकां जाणविकाय जाल्या आमच्या हातांची
हे हात आमचे आसा
आमकां आमचो फुडार आसा.

स्राप

तळतळाटून तांका दिल्लो स्राप
तांच्या आंगाक भोगां पडून भरूं माप
तांची मुस्तायकी वासाची आसता
पूण ते गाणीत बोटां घालून हुंगता
आयचे स्राप तांच्याखातीर वर जाता
ते आयज तांका दिल्ल्या भोगांनी भोगता

देंवचार

थळांथळांतल्या लोकांतलो
देंवचार आयज जागो जाला
तो दाव्या उजव्या हातांनी बोबो मारता
म्हाकां फटयलो, नागयलो
धुवन व्हेलो, ह्या आवाजावांगडा
किळांच्योय आयकूंक येतात
आयज मेरेन ताका 'मान' दिलो.
कोंब्यांची तकली, बोकडांची शिरां
दिवन फटयलो
मसाले ताका खबर ना
तांच्या तोडांत सुटलेल्या लाळेखातीर
तांणी ताका ती सागवात दिल्या

सणक सणक मुतारेचो आवाज
आयज ताणे तयारी केल्या
धायदिकांच्यो शिमो घट्ट केल्या
मिरवणुको ताणे आडावन धल्ल्या
कोणाचो मान वचत
कोणाच्यो तकल्यो फुटत
कोणाक खबर ना
ताणे दिल्ल्या खांब्याकडची
सुरिंगाची वात धुंवता
मोठमोठ्यान किंळाच्योय
आयकूंक येतात

मळबाच्यो कविता

१

मळबाचें दान हांवें
दोंय हातांनी मागून घेतलां !

२

दिठी दिठीनी मळबां झेलून झेलना
हो साळकाचो बोंगो दोळो उगडून उगडना !

३

हांगा झाडांपेडां मळबाक लुंचतात
पयस थंय सुक्या सड्यार
काळो कृष्ण आंवडे घोट्टा

४

भोंवतणी अयस पयस रखरखत्या सड्यार
एक मळब बुडबुड्याचें
ताण धरून

५

मनांतल्या वोलसाणीचेर
किल्लोवपी पांचवीचार सपना
पूण, ही वोताची रखरख
आनी फुटोळ्यो गेल्ल्यो आशांक
शे ऽऽ
दोळ्यांत दुकां हाडून
ध्यास घेतलेले हे वोले दोळे
पूण तें आकाश सुकें पाशाण !

६
मळब ...
तंबूचें पांखें विस्कटून
दैवी सुलतानाचें दार !

७
बोडको रुख...
काती गेल्ले खांदयांचे हात
मळबाकडे
जिणेची भीक मागीत !

८
मळबाक वेंग
मारुंक वचपी
पिसोळीं ...
तांचेर
कावळ्याच्या चोंचिंतली
मरणाची सांवळी

९
एरियेल
आकाशाचो पेज घेवन !

१०
किर्ण ...
उजवाडाचो वोतो
अनंत सुर्याचंद्राक
जोडपी पूल
अनंत काळ चलपी

खोल खोल
मळबाचो घेवंक थाव
सदाच व्हडल्या आकाराकडे
वचपी बा किर्णा
तुज्या वेगाची तेजाची
आमकां तोखणाय करुंदी
तुजो आमकां
पालव जाय
वांगड जाय

११
आर्यभट्ट सांगतालो
हांगा थंय
थंय हांगा
झोंप घेयत
''जेन्ना मनीस वर्टीकल उंच सरळ
ताडमाड वाडटलो
कल्पनेन,
तेन्ना मळबाची
लिमिटलेस थिअरी
हाताक लागतली.''

१२
हांव दुःखाचो दर्या उचंबळू
गुडूप काळखी मळबांत विरघळू

मळबखोल

तो दीस गेलो भिरांकूळ सपना सारको
तुज्या वचपांत म्हज्या जिवितांत जालें मळबखोल
आतां तूं तें आसा एक मळब
ह्या मळबाक ना आंगपांग
मागीर पडटली कशी सांवळी

म्हाकां केन्ना केन्ना भेटता कुपांसांवळी
आनी लावन वयता मायेचो चुरको तितलेंच
पूण तूं ना, तूं आसा तुज्या नासपातच
हें मळब म्हज्या माथ्यावयलें
रातीच्या वेळा भरलेलें
सामकें देंवता म्हजेलागी
मागीर नखेत्रां कोरायल्लीं म्हज्या काळजांत
जातात चड चकचकीत नविताल्ल

मळब-गर्भाशय

म्हज्या बोंबलेच्या मुळाच्या सोदांत
गर्भाशयाक उलो मारीत
चलत आसा हांव

वार तुटलेल्या बोंबलेची कुरू सांबाळीत
म्हजे अदृश्य नातें सोदीत
पावलां मारतां हांव

ह्या अनंत मळबाच्या गर्भाशयांत
हेरा सारको घडत झडत
अखंड चलतां हांव

हांव मनमळबांत

मनाच्या मळबांत गाजतात उल्यार उले
गाजपाक ओ मेळटा केन्ना केन्नाय
आनी म्हज्यांतलो हांव वयता घडत
हांतल्या पावसार आकुंरता म्हजे पांचवेंपण
म्हज्या जोरगतीच्या दर्या उमेदीर
ह्याच मळबाची रंगता निळी सया
मळबांत हांव भोंवता हुबत हुबत
हांतल्या तेजवंत सुर्याक दवरून गवाय

आकाश

हे हात तिरकीट काडटा
शब्द शब्द गोड शब्द ते
हांगा ब्रह्म आगळो वेगळो
आकाशातून आकाश निर्मिता
लयबद्ध गतीन सगूण निराकार
धा धा तिरकीट धाधातिना
ता ता तिरकीट धाधाधीना

वस्ती

वेंगेंतून उरलेलो रुख
आसा मूळ रोवन
वयर वाडलां मळब
ह्या रुखाच्या पानार
हांव वस्तीक बांदता म्हाल
ह्या पानावयले म्हाल
पानसकट पडटात तुटून
आतां म्हाकां लागल्या
ह्या पानाच्या देठाची वोड
थंयसून हांव वचून
रुखाच्या खोल खोल
मुळावस्तीक जियेतलों

NORTH KONKANI CENTRE
पुस्तकालय

भूंय, मन आनी मळब

हांव जे जमनीर रावलां
ती आसतली भाटकाराची खंयच्याय
नाजाल्यार सरकारी
नाजाल्यार कोणेय कब्जा केल्ली
वा आपल्या नांवार केल्ली
म्हज्या पायां सकयल जी भूंय आसा
ती मात इल्लीय म्हजी न्हय

हांव जिप्सी करसो भोवतां
हांगा थंय थंय हांगा
लमाणी भशेन खंय चूल मांडटा
केन्ना कोणय धांवडावन घालता
चुलीसकट हुमटून भायर मारता

म्हजीं भुरगीं हालीं
ह्या गांवांतल्या शाळेत शिकता
तीं म्हण्टा 'भारत म्हजो देश,
म्हज्या गांवाचें नांव बेती'
तेन्ना म्हज्या काळजांत
खोल शून्य फोंण पडटा

फाल्याच्यान म्हजें काम
पयस खंयतरी आसा
फाल्याच्यान म्हजें हांगासावन
बिराड हालोवपाक जाय

फातोडेर हांव वयतलों पयशिल्ल्या गांवांत
थंय मात आसतलेंच आसतलें
म्हज्या माथ्यावयलें मळब
म्हजे बरोबर येतलो थंय
हातुंतलो चंद्र सूर्य
म्हज्या माथ्यावयलें मळब मात
म्हजें मन कशें
आसतलें म्हजे बरोबर
तें एकटें मात म्हजें
मन आनी मळब

सर्व अवकाश

घेवन येयला कितें?
घेवन वतलो कितें?
'काय ना'
मागीर केलां कोणाखातीर
'भुरग्यां खातीर'
भुरगीं कोणाची?
'म्हजी'
तुजीं कांय म्हजीं
सगलें हांचें ताचें
काळाचें खाजें
मागीर केलां कोणाखातीर
'सगळें केलां म्हजेचखातीर'
तशें जाल्यार तुजेंय कांयना
तूंय कोणाचे न्हय
इतले येयले इतले गेले
लाखांनी कोट्यांनी
लाख लाख वर्सां उलगलीं
तरी कोणकोणाचो उल्लो ना
कोणाचें कितें उल्लें ना
तीं बाबडीं वर्सांय उल्लीं ना
काळाचेंय खाजें
'मागीर कोणाचें तर?'
तो सर्वत्र सर्व अवकाश
आवांटून उल्ला
आनी हाताकय लागना
ताचें कांय?

कोण तरी
कितें तरी

हांवें भुंयेकडलें घेतलें
दर्याकडलें घेतलें
वाऱ्याकडलें घेतलें
सुर्याकडलें घेतलें
आनी हांव म्हूण
जल्माक आयलों
ह्या अवकाशांत

हांवें हाचेकडले घेतलें
ताचेकडले घेतलें
आनी हांव म्हूण
उबो जालो
ह्या सर्व अवकाशांत

हांवें हाचेकडलें ताका दिलें
ताचे कडलें हाका दिलें
आनी हांव म्हूण उल्लों
कोण तरी
कितें तरी

सुवात

–चंद्रार आसा सुवात
तीस पस्तीस पयशे m^2
– व्वा ऽ व खूब सवाय
हांगां भूंयेर पांच हजार रुपया
जमीन चौखण मिटर
– घेवन दवर एक लाख m^2
उपकारा पडटली फुडें
खूब जाणानी कितलीशीच m^2
दवरल्या विकत घेवन
एक कंपनी दिता खंय
जाय तितली जागा चंद्रार
नोंदणी करून दवरपाची

आपल्याक जाय तितली
- पूण थंय वचपाक
वाहन वा वाट
- वाट कित्याक जाय?
हांगासून दिसता न्हय
अमकी अमकी m^2
सुवात म्हजी चंद्रावयली
अशें म्हूण एन्जॉय करपाचें
केन्नाय पावतलो तूं
नाजाल्यार तुजो वंशज
- म्हणजे कल्पनेतच घेवपाचें विकत
आनी कल्पनेतच रावपाचें
-कित्याक कल्पनेतली सुवात
न्हय बरी
कल्पनेत थंय रावप
न्हय बरें

आतां मळबूच विकूंक काडलां खंय
जाय तितली स्पेस घेवपाची घनमीटर
चंद्रावयल्या सुवाती परसय
खूब खूब सवाय
आतां कोण जाणा
मळब आमचें उरत म्हूण ?
आमचे कल्पनेतलें लेगीत!

मळबा

म्हजे नदरेक
व्हड व्हड जावन गेल्लो मळबविस्तार
मळबा,
खंयच्या नदरेन तुकां हांव वेंगांव?
म्हजे हे दोळे थोटे, पांगळे, कुड्डे
तुकां खंयच्या दोळ्यांनी
हांव वेंगांव?
तुज्या फुड्यांत आसुनय
हांव पयस
खंयच्या दोळ्यांच्या हातांनी
हांव तुकां वेंगांव?
लागसून पयसून
तुज्या मळबविस्ताराक
म्हजो नमस्कार !

तुकां खंयच ना शीम ना मेर
तुका नाच्च अंत
तूंच एकटो हांगा अनंत
तूंच एकटो खरो
तूंच एकटो निखळ, शुद्ध
तुज्या अश्या निखळपणाक
हांव करता नमस्कार

आकाशशिल्प

रातच्या काळखांत
उबें रावलां निराकार
आकाशशिल्प ...

निराकार आकाशशिल्पांत
नखेत्रांचे लिकलिकीत
आकारलेले दिवे ...

लिकलिकीत दिव्यांचें
निराकार आकाशशिल्प
झगझगीत झुंबर ...

रात

वाट पळयत सांज
दोळ्यांत धरून
भिरांत रान ...

काळी गुडूप रात
पालोवन एकसुरी
एक वात ...

मध्यांनी पातकड्यांत
किर्र काळखी
दुखां भार

सांवळी

सकाळी उठून सांवळी
हळू हळू पावलांनी
चलत लागता...

दनपारां झाडांपोदां
सुशेगाक खर्शल्ली ती
बसून उठ्ठा ...

हळू लांब लांब चलत सांजवेळा
घोटेरांत झाडां झाडांतल्या
पावल दवरता

पदर वोडून सांवळी
काळी काळी रात
जावन येता ...

D KONK II CENTRE

पिर्शे

एका शेवण्याक
एका रुखाचें
पिर्शें लागलां
त्या रुखाचो
रंगान रंग
ताका लागला

खांदयेर खांदयेर
पाखां फुलोवन
नाचत रावता
आपली पाखां
पाना पानार
भोंवडयत रावता

पांचवो रंग
जेन्ना ताका
उलो मारता
तेन्ना ताच्या
आंगांतलो मोर
नाचत रावता

मळबमोर

रातीच्या सुवाळ्याक
मळब निळो
कोर सोडून
मोर काळो
पांखापांखांनी
फुलोवन पिसारो !

पांखांक नखेत्रां
दोळ्यांक चंद्रीम
चंद्रीम चान्यत
चांन्यांत उप्पाट
गाबीण रात !

अखंड-ट्युबलायट

पालवताच रात
आकाश क्षितिजार
पेटत फिलामेंट ...

आनी अखंड
चक्क जायत
आकाश - ट्युबलायट...

आकाश मार्गांनी
आकाश - ट्युबलायट
घरांघरांत ...

त्याच वखतार
'करंट ऑन'
जिवांजिवांत ...

रात परमळटा

काळी सांवळी रात
तिच्या आमोरी आमाड्यार
सांज फुलां फाती ...

काल तो येवन गेलो
तिच्या खर दुवाळ्यांक
वासाची रानमाती ...

तिच्या भरलेल्या हुंटयेत
मोने कळयेकळयेक
पसवता दिठी ...

रात तिश्टत झाडउबी
तिच्या दोन दोळ्यांत
वाटेवयल्यो वाती ...

तो घेवन आयला
नखेत्रांचे किरमोर
तिच्या सबनभेटी ...

फुल्ली ती जावन खोशी
रात परमळटा
मळबाचे मिठी ...

झेम

ना वाजयतां पावल
दोळ्यांच्या हुंबऱ्यार
लजत झेम ...

दोनूय दोळ्यांत
घालून काजळ
न्हिदकुरी झेम ...

कांबुल्ल्या पदर
तिच्या पालवाचे
गांठीक सपन ...

बसली बाज्जेर
आंगभर सोडून
मोवाळ केस

ना भान पातकड्यां आड
थेंब थेंब रकत
तर्र लकणी ...

झोंबली आंगांपांगाक
शिरंतरां जालीं
थीर शांत ...

आहेर

तुवें सांगलें म्हाकां -
जॉन तूं नाका वापरूं मुस्तायकी काळी
ती घेता दुखाक अदीक वेटाळून

हांवें सांगलें ताचेर -
वापरचें पडटलें हें एक वर्स तरी
तूं रंग रंगयाळी मुस्तायकी वापरता न्हय
तीच पुरो म्हाकां
तिचेर केन्ना जांबळीं-धवीं भूंयचांफी
तर केन्नाय इंद्रधणूचे रंग घेवन
फुलतात फुलां
म्हज्या दूःख काळ्या मुस्तायकेचो सांगात
जमना म्हाकां सोडपाक
ती म्हज्या दुखांचो उद्गार

बऱ्याच दिसांनी म्हज्या वाडदिसाक -
तुवें आहेर केली मुस्तायकी काळी
आनी म्हणलें, मेटलें काळीज वोठांत उगतें करीत
हांव आसा तुज्या उद्गाराच्या सांगाताक
मागीर तुजे केळीची धवीच काणी कशे
गोरे हात म्हज्या गळ्यांत घालून
हातांच्या बोटांची गुंथली फांती
आनी म्हज्या केसांचो काळ्याखोल
तुवें घेतलो उमो

जाणा मुगो मोगा

सांजवेळा
टण्ण टण्ण् आवाज करून
इगर्जेत कोणाच्यातरी मर्णाची
घांट वाजली
बोलाफुलाक गांठ कशी
आंगांक खोबरेल तेल लायतल्या
जॉनाक
पोंग पडलेले तिणे
खर्शत पूण फकाणानी म्हणलें-
''जॉन तूं इतलो म्हातारो जालो
तरी कुडीची कुयदाद बोरी घेताय मुरे ''
गालावयल्यो मिरयो रुंदायत
तो मुमुरखो हांसलो
आनी म्हणपाक लागलो-
जाणा मुगो मारीया
आमगेले इगर्जेकडले

सिमितरीचे कुशीक
आंब्याचो व्होडलो रूख आसा
त्या आंब्याच्या रुखाक
गोड गोड आंबे खोटल्यांनी पिकताय
आनी गांवचे लोक खाताय
जाण्टे, भुरगे, सोगलेच
हांवें चोयलां
म्हुज्या ह्या दोयांनी
सिमितरीच्या जमनीत
फोंणातुल्या मातये कणकणी
त्या आंब्याच्या रुखाचीं पावल्लीं
बारीक बारीक मुळां

हांव मरतोकूच
सिमितरीत म्हुजें बरें जानोत
सारें जातोलें
आनी ह्या आब्यारुखाक मेवतोलें

जाणा मुगो मोगा
हांव मेल्या उपरान्त कांय तेपान
त्या आंब्यारुखाक बोरी चंवरां फुलचीं
आनी तुज्या म्हाताऱ्या भुरगेपणांत
त्या आंब्या रुखाचो एक तरी
पिकलेलो आंबो गोड
तुकां खावपाक मेवचो

वावाच्यो कविता

१.

तो व्हांवत आयलो
साता समींद्रा पलतडल्यान ...
ताणे दर्यार मोडां खेळयलीं
वोसाडीर वोसाडी उसळळ्यो
खांदार दमळां जोगलां माल्लीं....

तसोच दखिणेकडल्यान उतरण
तो व्हांवत गाजत आयलो
दर्यातडीन जांबय दिवन वळळें आंग
झाडांपेडां सोशेवंक लागलीं ...

दर्यादिगेर एक जुवान
ताच्या दोनय भुजांनी वाव
नाकपुडयो फुलोवन रिगलो वाव
शिडतायट हड्ड्यांत कोंडलो वाव
ताच्या शिरंतरांत फुंकलो प्राण
आंगार ल्हवे कणकणी भोंवर
रगतांत उमाळ्यो वोसाडीर वोसाडी
ताडीताडीत सणण सणण गाज ...

२.

झिळमीळ फांतोडेर शीतळ वाव
जमनीवयल्यान दर्याकडे
आंगपांग ताणून व्हांवोंक लागलो
तशी दर्यादिगेक जाग आयली
सांवार जावपी धील उदकाक
पयस भरतेची ओड लागली

दर्यादिगेक काल सांजे
नांगरोन दवरलेली तारवां
लामायावांगडा हालोधोलों लागलीं
तारवांच्या कुंव्यार
खारव्यांनी धविफुल्ल शिडां
बावट्या भाशेन जोमान वोडलीं.
शिडां फडफड जायत ताण जावन आकारलीं
आनी दमानी आंवुळ्ळ्यो तसो
शिडांनी ओडटो वाव भल्लो
आनी एक एक तारूं
बंदीर सोडूं लागलें
उदक निळें सळसळ कापीत
तारवां नेटान चलोंक लागलीं

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

३.

वाव सामको पडलेलो
झाडांची पानां थीरशांत
वाव दोंगरा पलतडी पयस खंयतरी
न्हिदलेलो कुंरगुटी करून
दोन दीस पावसाची सेगीत झड
शेतांतल्या कुंणग्या कुंणग्यांनी भरलेलें उदक
आनी अचकीत सळ् सळ वाव
शिळोणी घालूं लागलो
तशें शेतांतलें शांत उदक मेरांकडें
खेळूं लागलें आडांगीपणान
मागीर दोंगराच्या पलतडसून येवपी
वावाचे लोट, लागले व्हांवपाक
माडाची चुडटां वचपाक लागलीं तुटून
वावाचे लोट मदी घुस्पले शेतांत
तें घुंवपाक लागले एका पांयाचेर नाचलेवरी
शेतांतलें उदक वावान उखल्लें वयर
आनी वावा वांगडा लागलें घुंवपाक
उदकाचे वांटकुळे कारंजी-भोवरे
ते घुंवत उसळ्ळे माडभर
वाव उदकाच्यो वांवटळ्योच वांवटळ्यो
पानां धुल्लाभाशेन वावटळ्यांचो सांवार
वयर उसळपी वाटकुळें तांडवनाच
भाटा शेतांत लोकांच्यो हुयेलीर हुयेली
काळजांत थरथर जिवाच्या आकांतान
घुंवताले वावटळीन थंयचे प्राण

विजशार

शारांत खांब्याखांब्यार
बावटो उभारून घोळटा
वीज शिरंतार

रातीर जनेलां
घरांघरांतली चित्रां
घराघरांच्या दोळ्यांची खोबण

रस्त्यांतले जनेलांचे बल्ब
भायर येयल्ले
दोळे मुंडोळ्यांचे

शारगांव जागोवपाक
हातांत कोणायच्या
ताड बटण

काळखांत शार शेणोवपाक
काळीज ट्रांस्फरमराचो
मज्जातंतू फ्यूज

मागीर गस्त घालीत वीज
तिच्या नियंत्रणांत राज्य
विजशार

आमी

कोंकणी लेखक आमी
कोंकणी आमची प्रादेशीक अस्मिताय
जे भुंयेर आमी रावल्यात
ते भुंयेतल्यान घेतात आमी बळ
आमच्या काळजांत सदा गाजता
उचंबळपी दर्या
आनी दोळ्यामुखार अनंत आकाश

संत ज्ञानेश्वर आमचो सोयरो
संस्कृत भाशेक भायर मोखून
ताणी आपणायली मराठी भास गांवगिरी
तशेच आमी कोंकणी लेखक
आमी आपणायली कोंकणी भास

संत तुकाराम आमचो इश्ट
ताचेच सारके आमी रोखठोक
कोंकणी राजभास चळवळी वेळार
आमी म्हणलें 'घालूं बोब'

शणै गोंयबाब आमचो दायजी
शणै गोंयबाब आमचो आदर्श
शणै गोंयबाबाचो हावेस आमचो हावेस
कोंकणी भास आनी राज्यसंकल्पना
आमच्या मुखार स्पश्ट मांडली ताणीच

आमच्या म्हालगड्या साहित्यिकांनी म्हणलें
रायटर न्हंय फायटर आमी
आतां आमी म्हण्टां
गोंयचे किंगमेकर आमी
राजा आमी, राज्य चलोवपी आमी
सगल्यांत पयलीं मनीस आमी
लख्ख फुडाराचे धनी आमी

रातच्या वेळार

रातच्या वेळार
लायटींच्या झगझगीत
मुकुटाच्या उजवाडांत
शेणून गेल्ल्या
शाराक मळ्ळांतल्या,
फयूज जळून
अकस्मात काळखांत
माथ्यावयल्या नखेत्रांची
एकाएक मदीच
याद जाली
जाण जाली
आनी शारान
लिकलिकीत अख्ख्या
मळबाक पळोवन
हात जोडले

बाजार

१.

वीस रुपयांक पांच बांगडे
झेलांतले
कालचे पयरचे,
वीस रुपयांक तीन बांगडे
ताजे
तांबड्या रगताचे फडफडीत
आतांच मारलेले

बाजारांत,
एकाच्या ताज्या फडफडीत मरणाक
कोणाक तरी
चड पयशे मेळतात.

२.

अर्दें भरलेलें पाटें
ताचेर फळी अशीर
'नाडपेन्न' करपाक
फळयेचेर चार
कांटयाळीं नुस्तीं

चार बारीक कांटयाळ्या करबटाच्या
म्हारक दराक
दोन थानां मोठी
उगडीं घालचीं पडटात

३.

बाजार मांडला
बाजाराकुशीक हॉटेल वेवस्थीत
हॉटेलांच्या दारांत
ती उबी ...
वाट पळयत गिरायकाची
लकलकीत साडी न्हेसून
कपलाक कुंकू लावन
आमाड्यार मोगरेची आटी
माळून वासाची, दिसपी नीटशी
असो,
कोणायच्या तरी हिजडेपणाखातीर
तिका बाजार मांडचो पडटा...

तरी पूण भितल्ल्यान तिच्या
जिवितांतल्यो काडयो बोडयो
विस्कटलेल्यो त्यो विस्कटलेल्योच

जिवीत संगीत

१

संगीत म्हणल्यार हार्मोनी
सूरसंगम सुमेळ
ही हार्मोनी
तुमच्या आमच्या
सगल्यांच्या जिवितांत
येवंची

२.

हांव जाणा
म्हज्या काळजांत
उत्सव चल्ला सतत
आनी ताचो गाज
म्हज्या शिरंतरांतल्यान आसा व्हांवत
ताका म्हणुया जिवीत
कांय संगीत
म्हणुया संगीत
कांय जिवीत

३.

हो पावस म्हणल्यार जिवीत
हो पावस म्हणल्यार संगीत
तो आपली लय आनी ताल
येता सांबाळत शिंवरत
हो नासल्यार खंयचें जिवीत
हो नासल्यार खंयचें संगीत
हो पावस म्हणल्यार संगीत
हो पावस म्हणल्यार जिवीत

गुरवार बायल

गुरवार बायल चित्ताली
प्रसूती घरांत-
हांगा भरिभार दोतोराचेर
ना घोवाचेर विस्वास
काळखे कुडीतल्या गडबडीचो
जातलो हांगा प्रकाश

लोकशाये घोडो

लोकशाये घोडो
शतकोटी पायांचो
शतकोटी हातांचो
लोकशाये घोडो

आयाळ ताची हुरहुरता
नाक ताचें फुरफुरता
लगाम नासलेलो मेकळो
शक्तिवंत घोडो

यमुनेच्या तटार केन्ना
कावेरी कांठार केन्ना
हिकडें तिकडें धांवपी
मोठो चंचल घोडो

हुबयत बावटे
नितिचीं बोंदेरां
कल्याणाची अब्दागिरां,
सहस्त्र घुडयांचो घोडो

जनसागरार हावेस उंचाबळ
दर्यार मोड
त्या मोडांतल्या ल्हारार
ल्हार घोडो

ल्हारावयल्या घोड्यार स्वार
राज्य नागवणे चोर चार
मागीर फेरस काडीत निर्शेलो
तो, लगामी घोडो
लोकशाये घोडो

इदाच्या चंद्राची भेटवण

१.

सकाळी सकाळी
रुक्साना आयली
घेवन रंगयलेल्या मेथयेच्या हातांनी
इदाची गोड गोड भेट
ताट भल्लेलें उप्पाट
ओतपा इतलें
वयर धवो फुल्ल नक्शेचो
तुवालो जाळये जाळयेचो
तिच्या सुरमी दोळ्यांत
काजळ काळें काळें
आनी काजळाचोच
कोरायल्लो गालावयलो तीळ
आंगार कपड्यांची झिरझिरीत
नवी खोमशी रंगरंगयाळी

येवन हांसली
आपल्या बारीक बारीक दोळ्यांनी
तेन्ना दिसले तिचे
इल्ले इल्ले दांत दुदाचे

हरशी केन्ना येवन
बडबड बडबडपी ती
परत खुदूखुदू हांसली
म्हाकां तेकून उबी रावली
मांजर कशी घशटली
आनी न उलयतां गेली
फाटल्यान आपले पावडरीचो
चेराचो परमळ हुबयत

म्हज्या मनांत तिचें
बालीस हांशें
गणयगणय गणयतालें
आरे, हांव विसरलेलोच
घेवपाक तिच्या गालाचो
गोड चिमटो

२.
अशीं बरीचशीं चंद्रवर्सां अस्तमलीं
तिचे दुदाचे दांत
केन्नाच झडून गेले
ती दर वर्सा येताली
इदाची भेट घेवन
आपल्या मेथयेच्या रंगीत
उप्पाट हातांनी
पांचवी दनपार कशी
ती इदाच्या चंद्राची
नखेत्र कशी उठून
तिच्या दोळ्यांत
चंद्रूच चंद्र
फाल्याचे

३.
आयज मळबांत
इदाचो चंद्र पळयताना
तिनसांना अमूरपिके
दिसलें म्हाकां
दीस बरो गेलो
भरून गेलो
इदाच्या चंद्राचें
चान्ने इल्लें
म्हज्या जिवितांत
ओततालें ....

प्रवाह

तो अनवळखी परदेशी मनीस
फेरीबोटीत भर गर्देंत
केन्ना केन्ना मेळटा
पळोवन हांसता म्हाकां
आमी उलयना कांयना
तो परत अनवळखिचोसो
गर्देत आस्पावता

आयज अचकीत तो फेरिबोटीत
वळखी-अनवळखी गर्देंत
मांडवी न्हयच्या प्रवाहांत
तो हांसता आनी ताचे दोळे
अदीकच भावातूर लिकलिकतात
हांव वयता ताच्या म्हऱ्यांत
फुडें करता म्हजो हात
ताच्या हातांत हात दितां
ताचेकडे कितें उलोवचें
तें कळना कांयच

आमचे हात तशेच उरता
बरोच वगत
हांव निशब्द
त्ताचो हात दाबतां
अचकीत ताच्या हाताची
ताड म्हज्या हाताक लागता
तड तड तड तड ...
निशब्दतायेतच आमी
उलयल्ल्यावरी जाता

मदी लोकांचो बोबाळ
पूण म्हज्या मनामोनेळांत
भोंवर खोल खोल
दिसता आमी खूब पयली सावन
एकमेकांक वळखतात
हांव खूब फाटल्या काळांत वयतां
दिसता हो आसतलो
म्हज्या आदल्या
आज्यापणज्यांच्या नात्यांतलो
वा केन्नातरी
खंय तरी आमचे आवय बापूय
एक आसतले ...

पूण हो म्हजे सारको दिसना
ना म्हजे सारकें रूप
ना रंग, ना ठेवण
हाची ढबय वेगळी

हो तर परदेशी पयसुल्लो
तरीय तो म्हाकां
दिसता लागिचोसो

आमी मांडवीच्या प्रवाहांत
परत आमी निरोपाखातीर
हातांत हात घेतात
आमच्या उबेच्या हातांत
म्हाकां जाणवता परत ताची
तड तड उडपी ताड
आनी त्याच तालांत
म्हजीय ताड म्हाका जाणवता
तड तड तड तड...

ते दोनय बीट्स्
एक जावन
म्हज्या हातार थेंब थेंब
पडल्याचो भास
त्या लांब लांब प्रवाहांत
हांव भोगीत आसतां

घर

पावसाळो उलगल्या उपरान्त
त्या शेतांतल्या आंब्यापोढां
एक घर उबें रावता
घोव बायलेचें आनी भुरग्यांचे

त्या घरांत
कदीम काळाचें जिवीत
आनी जिविताक रसण दिवपी
ती तीन खुरांची चूल मांडलेली

घराक ना वणत, ना पांखें
ना जनेल वा ना दार
पूण एकूच आसा भरिभार
विस्वासाचो, मोगाचो

घराकडे काम दिसभर
ल्हान व्हड पाटल्यांचें, सुपांचें
केन्ना हातरपटे जातात तयार
लावपाक दुसऱ्यांच्या घराक

घरा शेजरा लांब लांब मानीकोणे
पूण तांची जायना एकूय घराची खुंटी
वा वयलें आडबारें
घडपाक बंदीस्त मठी

सांजवेळा विकलेल्या
पाटल्यांच्यो सुपांच्यो
जाता खरखर भुकेक
हुनहुनीत उणयो..

तीन कातरेर आमोरेर
रसरसून पेट्टा चूल
तिणे भाजलेल्यो भाकरी
परमळटात सुरमूस

मागीर तांच्या घराचें
काळखे चान्नें रातीचें
उबदार दार मेटता
काळखी झालरय लागता झिरझिरीत

पानानी कुचकुचीत चंवरलेलो
माथ्यावयलो आंबो लेगीत
वोणोव घेवन घरार
येता बागवोन

WORLD K... CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

मूळ आमी

न्हंयचे मूळ आनी
रुशीचें कूळ
सोदूंक वचचें न्हय
अशें सांगतात
हें शाणेपण
कितल्याश्याच वर्सांचें
म्हणून म्हण्टां
मुळां आपलीं
सोदूक वचचें न्हय

आदीम काळासाकूनच्या
इतल्या वर्सांच्या
जिवितांचे भोंवडेंत
आपलीं मुळां अमुकूच
म्हूण कोण करसो सांगतलो
आपलो मूळ पुरीस
आपलो मूळ वाठार
खंयचो म्हूण
आमी सांगतले
आनी सोदीत रावतले,
आमी तर मूळ
दिगंतराचे प्रवासी

जण एकल्यान
हुबत रावंचे
सांवरीच्या कापसाभाशेन
मदीं आपलें बीं
घट्ट धरून
बियेंतच सगलें, सगलें आसता
'मूळ धरून'

मदी मेळटा तशें
मातयेर देंवून
घेवचो विसव
आनी बियेतच आसपी
आपलीं मुळां
अचळय सोडून
मातयेंत खोलखोल
रुजोवचीं,
रूख जावपाक नवो

उपरान्त
आपलीं बियां
मुळासकटचीं
मोखून मारचीं
मळबांत विशाल
जाका अंत ना पार
आमीय अनंत
आनी आमकांय
ना थाव

माये वसुंधरे

हे धरतरे माये वसुंधरे
पायांक आमच्या दी आदार
तूंच धरता गिरीवर
आनी विशाळ सागर

तूं आमची धात्री
तूंच आमची जल्मदात्री
तुजेच हुंटयेत जिवावळ
पोसता ही अन्नंवर

तुजो अखंड विस्तार
तातूंत विंगड आकार
तुज्यांत रावपी आमी
जाल्या विविधतायेन साकार

तुज्यांत आमचें जनन
तुज्यांत आमचें मरण
तुज्यांतच आमी जगतात
जादूची जिवाळ जीण

तूं सुंदर, जिणय सुंदर
सगलें सुंदर, सगलें मंगल
आमकां सदाच तूं उभार
दिवन चेतनेचो आधार

सुर्यदेव

आकाशिचो सुर्यदेव रे
प्रकाशाचो गुळो
आकाशिचो सुर्यदेव रे
उज्याचो रे गुळो

आकाशिचो सुर्यदेव रे
उबेचो धगाटो
आकाशिचो सुर्यदेव रे
जगाचें रे जळण

आरे सुर्यदेवान केली
उदकाचिनी वाफ
मळबांत व्हरून
शिंवरायलो पावस

आकाशिचो सुर्यदेव रे
जिणेचो निर्मातो
आकाशिचो सुर्यदेव रे
चलयता संवसार

आरे सुर्यदेवान केलें
नवलाचें अजाप
उबेच्या शक्तीन
निर्मिले प्राण

आकाश तूं अवकाशा

आकाश तूं अवकाशा
सगलेंच तुज्यांत आसा
आसात तुज्यांत हे वायू
ही धरतरीय आसा

उंच उंच दोंगरमाथें
खोल खोल सागरतळें
रुखाचे वाडते मळे
सगळ्याकच दिता जागे

सुर्यचंद्र हे उदेता
तारेगिरे ते अस्तंमता
तुज्यांतल्यान प्रकाशता
तुज्यांतल्यान काळोखता

काळी काळी पावशी कुपां
तुज्यांतल्यान वर्षता
वायूमंडल वयरसकयल
तुज्यांतल्यान जाता

वयर वयर अंतराळ
सगल्याकच तूं उल्ला
हावेस व्हड आसुनय
हांव मात शून्य जालां

शेवण्यानो

शेवण्यानो सकाळीं येयात पोरसांत
खोशी येतली म्हज्या घरांत
गितान तुमच्या फुलतलीं फुलां
स्पर्शान तुमच्या पिकतली फळां

कोगूळराणये आळय तुजे सूर
आयकून आंब्याक फुटती चंवर
किर्रय रे किरा ताळये ताळयेर
नाचान फुटतले पांचवे आंकूर

धोलय बोचुंड्डे माथ्यावेलो शेंडो
म्हज्याय आंगार भोंवती गोंडो
पारव्या माथ्यार भोंवर भोंव
कानांत कर म्हज्या घुटूर घूंव

बस रे कावळ्या म्हज्या घरार
उड, सोयरो येता जाल्यार
टिटाकोय गाय गे तुज्या वेळार
सांजचो हाड म्हाकां भानार

सांजवेळा शेवण्यानो नाचागायात
शाळा भरात म्हज्या आंगणांत
तिनसांजा वचपाक घोटेरांत
म्हज्याय आंगाक पांखां लायात

शिगम्यांतलें सवंग

१

शिगम्यांतलो रोमटामेळ
वाजत नाचत चलतालो
घुमचे कटर घूम
घुमचे कटर घूम
तांतले एक सवंग
लांब रूंद
उठून दिसपी सगळ्यांत
'अर्दी बायल अर्दो दादलो'
रोमटाच्या तालार नाचतालें
पायांत ताच्या बूट
कमराक अर्दी साडी
वयर हड्ड्यार ब्लावज
कानांत वेडी
कपलाक तिकली
तकलेक केसांची भिशी
पोट उगतें उगतें
तें वयर सकयल हालयत
सवंग तें नाचतालें
जशें कांय
पोटाच्या बोंबलेकडें
दोगूय जुळ्ळ्यात
बायल आनी दादलो

२

रोमटा मेळाभायर
एके चलयेन मदीच
कोमेंट माल्लो सवंगाक
'पोजडो मरे'
आनी आपूण प्रियकरावांगडा
हातांत हात घालून
भर लोकांत
लागली चलपाक
थंय आसलों हांव लागीच
म्हणलें हांवें मनांत–
पोजडें म्हणपाचें आसता
शिगम्याच्या सवंगाक ?
तशें जाल्यार मनशाचो सेक्स
तो कितें पोजडो तर?
तो तर बिवटीफूल,
एक मधुमिलन
जातुंतल्यान चलता फुडलें जिवीत
आनी जिवीत चलतें सुंदरतम
सगल्या सगल्याचीच बोमली
असली बोमली

रोजालीन मांय

रोजालीन मांय
तूं आसता
सगळ्या आवयांच्या
काळजांत
राबितो करून
केन्ना सावन

आनी
दर आवयचो पूत
'हांव'
रस्त्यार
अपघातांत मरतकूच
दर आवय अशीच
तुजेसारकी
तीळ तीळ तुट्टा
हुंडकेवन हुंडकेवन
जीव सोडटा

म्हजे रोजालीन मांय
तूं वसता समेस्त
मनीसजातीच्या काळजांत
आनी सगलें सगलें
मायामोग धरून वसता
तुज्या काळजांत

तुज्या दोळ्यांचो
तुज्या हुस्क्यांचो
काळीज दिवो
ह्या मार्गार
पेटोवन
तुकां आनी
रस्त्यार मेलेंल्यांक
आर्गां ओपतां
आनी तुज्या
उजवाडाच्या दिव्यान
सगळ्यांक
बरो मार्ग मेळूं
म्हूण मागतां

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

म्हज्या भावाचें मर्ण

म्हज्या मुखार
तुमी आसात
लोकांचो सागर आसा

हांव जाणा
तुमचो कोण ना तर
कोणतरी
ह्या रस्त्यार
अपघातांत सांपडला
कोणाचो इश्ट
कोणाचो सोयरो
कोणाचो शेजारी
कोणाचो पूत
कोणाचो बापूय
कोणाची आवय
कोणाची भयण
हाय कटा ...

पळय पळय
म्हजो व्हडलो भाव
गाडये पोदां चिड्डलो
रोदांनी ताका माड्डीलो
रस्त्यार रगताचे व्हाळ
तांबडे तांबडे काळे वोले

हांव निळ्या कल्सावांतलो
धव्या शर्टांतलो

शाळेचो विद्यार्थी
धांव घेतां
आनी अर्दें लूंड जाल्ल्या
म्हज्या भावाक वेंगायतां
ताचो हात वयर
'कोण तरी पावात' म्हणपाक
पूण ताच्या तोंडाक
उतर फुटना
दोळे मात
किंवाटून सोदता आदार
'कोण तरी पावात रे'
हांवय आकांतून
उलो मारतां
ताचेच हात
आनी दोळे जावन
पूण कोण पावना

तुमी लागीं
खूबखूब जमल्यांत
लोकांचे दाटूच दाट रान
म्हजें अरण्यरुदन जाता
म्हजो हांबेर
हांव एकटो एकटो उरतां

म्हाकां असंख्य वेदनांचे
घाये जातात
आनी तातुंतल्यान
म्हजेंय रगत व्हांवत रावता
काळ्या न्हयांभाशेन

२.

रस्त्यार जेन्ना जेन्ना
अपघात जावन
कोणय पडलेलो दिसता
तेन्ना तेन्ना म्हाकां
म्हज्या भावाचो चेहरो
ताच्यांत दिसता
तो जाता म्हजो भाव
ल्हानपणांतलो सांगाती
आनी हांव ताका
वेंग मारूंक
धांव घेतां

हांवें अशे
रस्त्याररस्त्यार
कितलेशेच
भाव जोडल्यात
जांचे हात तुटल्यात
पांय तुटल्यात
तकली फुटल्या
मान मोडल्या
घरापरसय
मार्ग
म्हजें संवेदनेचें
आंग जालां

हांव उलयतां

अख्खें झाड केन्ना केन्ना
म्हजे कवितेंत येता
लांबरूंद मळबाक भिडलेलें
मोने मोने झाड
म्हजेकडें उलोवंक लागता
आनी म्हाकांय भिडून वता

झाडाक कोंमरी फुट्टा कळो कशी
मोव विलूद बारीक पानांची
हडवे पानांकुराचे वोंठ
उगडटा उलोवंक हळूच
पानांकूर तांबडो पांचवो जायत
वयता म्हज्याय आंगभर

झाडांची मुळांय म्हज्यांत
आंगांपांगार पसरतात जाळें कशी
म्हाकां भायर भितर सांसपितात
आनी म्हज्या देहांत रिगून
झाड रावता वाडत
जायत चेतनेचें कारंजें

मागीर हांवूच जातां झाड
म्हजी पांयमुळां वयतात
खोल खोल गर्भभूंयेत
आनी माथें वयर वयर मळबांत
हांव सुर्याकडें उलोवंक लागतां
आदी अनादी नात्यान
सूर्य म्हाकां गोपांत घेवन पोशेता
म्हाकां ताची भास समजता
मागीर, हांवय ताचेकडें उलयतां
जिवाभावाचें

म्हजें रान

सैरभैर म्हजें रान
दोळ्यांतल्या दुकांनी
शिपूं येता कांय

रखरख मळार रान
काळजाच्या हुस्क्यांनी
वाडूं येता कांय

ताळो रानाचो सुको
वोलीन रानसुकणे
गांव येता कांय

संवेदना गळून रान
म्हज्या नदरांनी ताचे
दोळे उगडती कांय

थार पडलां म्हजें रान
प्रार्थनानी म्हज्या
उबे रावूं येता कांय

रानाचो अंदता पोटेर
उसू उसू काळजीन
पसवूं येता कांय

म्हजें उरता मरता रान
अशे संदी, देवादयेर
सोडूं येता कांय

रानाचो वयतासो जीव
जिवान म्हज्या, तातूंत
प्राण येवं येता कांय

आवय

भूक लागूनासताना लेगीत
आवयकडें म्हणचें
भूक लागली
मागीर ती आफयताली सगल्यांक
आमी स पोरां काचिबुर्चीं
बसतालीं एकामेकांक खेटून

दर एकल्याच्या ताटांत
जोखतेंच शीत
शिताक केन्ना बेश्टे कडवण
तर केन्ना नुस्त्याचें कालवण
ती दायेन शिताक घालताली पसरून
तेन्ना जाताले शितागोटे वोले

नुस्त्याच्यो फोडी, वाडटाली वांटून
वा उसळ जाय तितलीच
कोणाक कमी ना कोणाक चड
जाय तितलेंच, जोखतेंच

आमी भावंडानी कोणाक चड जालां
म्हूण भायर उडयल्लें याद ना
मात तिच्या ताटांतल्यो दोन उंडयो
शेजारच्या मांजराखातीर
ती दवरताली राखून

हांवें केन्ना ताटांतली
शिताची रास तशीच दवरून
बांगड्या फोडी खांवच्यो
आनी पळोवचें तिच्या तोंडाक
ती आपल्याक दवरलेली निमाणी फोड
म्हज्या ताटांत वाडटाली
आपलो पूत व्हडलो म्हूण

वाडचे तिणे
ना दवरून आपल्या जिवाक
म्हणून म्हण्टां
भूक लागू नासताना लेगीत
म्हणचें आवयकडें
भूक लागली

आवयचे हात

तिचे दोळे
खोल भितर गेल्ले
हातपांय बी
बारीक बारीक

आवय जेव गे
भुरग्याभाशेन
अशें कितें
हट्ट करता

ती जेवीना
ती तशीच वोगी
दातांची खिळी घालून
पेजेंतलीं कुयां
पडलेलीं जमनीर

अचकीत हांवें
ह्या म्हज्या हातांनी
म्हजे आवयचेर
माल्लें थापट

तिणे कांय म्हटलें ना
दोळ्यांतय तुकां हाडलीना
सगलेंच मोने मोने
बरोच वगत अस्वस्थ

मागीर पयस पयसून
आकाशवाणी जाल्ल्याचो
भास म्हाकां–
'हांव सगळ्या सगळ्यांची आवय
हांव तुकां शाप दितां
ह्या जल्मांत आनी
फुडल्या जल्मांतय
आवयचे हात दितां'
हे तिचे हात घेवन
हांव जल्माजल्मांतल्यान
चलत आसां

झिळमिळें तळें

१.

जागे आजून जांव नासलेलें
काळें सावळें खोल दिकांचे तळें
जंगल किर्र रेवाडून आसलें
रातभंयान भंय न फुलपी कळे

निळशें मळब जशें मोनेळांत
तळें तशें गुपीत कुवाड्यांत
काळय तीन गोठेवन त्या कांठांत
दिगंतेचो भोंवडेकार अर्थाच्या सोदांत

आकाश फांतेता झिळमिळटा तळें
रंग आंवाळघुंवाळटा निळे काळे
अत्तर वावशेन भुल्लुसता मन
सपनेता सृष्टीच्या जल्माचें ठिकाण

२.

येद्या व्हड शांत वाठारांत
हांव मोनो एकटो एकटो
तळ्याचें स्फटीक काळें उदक
लायता म्हाकां पिशें सवकास

सृष्टी जल्मा आदली शांतताय
काळवेळ आनी उदकय थीर
गोठेल्ल्या पाणयाक हात लावची
ओड ओडटा म्हाकां अनावर

फुड्यांत वयता लावंक हात
भियोवन हांव सरतां फाटीं
काळीज धडधडोवपी भास म्हाकां
हडकिता यक्ष, कांय कोणतरी

पांडव सगले पडल्यात मरून
अर्दे उदकांत अर्दे सुक्यार
तांच्या फाटल्यान आनीक कितलेशे
त्या कितलेश्याच पांडवा फाटल्यान
हांवूय मरून पडत मदल्या मदी

तशें हांव जाणा आयकून
यक्ष-पांडवांची मिथकथा म्हूण
दिसता म्हाकां तो वोगीच भास
तरीय फाटीं फाटीं सरतां हांव
लिपलां जायत अदृश्य मरण
वो तेळीत मानगें जळांतुलें

कितलो तरी वगत
हांव एके ठांय उबों
तीनय काळांतलें
सोडयत तें कुवाडें

३.

मळबांत फुट्टा तांबशें हयन्हयशें
तशी फांतोड देंवता जळांत
पांचवी काळीं झाडां पयशिल्लीं
म्हजे भोंवतणी फुगडी घालीत

जळांतुलें एक एक खोरूं
वयर वयर मोडत वांटकुळें
थिरतायेक पाणयाचे भेदता हळूच
फटवलों हांव म्हूण जायत
फातुल्ल्यांच्यो शापीत अप्सरा
मिस्कील हांसता आंग दाखयत

४.

गळोभर पाणयांत देंवपी हांव
पावलभर उदकांत वयता कांचवेत
लावन उदक दोनूय दोळ्यांक
पिवपाक उदक घेंतां पोशांत
हांव जाणा, आसा त्या उदकाक
म्हज्या जिवाचो रंग नी आकार
तरी थरथरता म्हज्या आंगांत
भंय अनामीक नी आदीकालीक

(थळ : अणजुणे धरणाचें तळें)

दोतोराचो कोट

तिचें आंग भाजलेलें साठ टक्के
जळलेल्या कातीचो येतालो वास
तरी ती खाटीर बसलेली हॉस्पिटलांत
आनी उलयतां उलयतां
दोळे वयरशे करून
लागली ती कडकडपाक
ती मरता ... प्राण सोडटा अशें जालें
तिचे दोळे पावले कपलाक
आनी ती गेली कोमांत

ती खाटीर आडवी
बेसुद्ध दोळे धांपून
तोंडाचेर, आंगाचेर
फुटलेले फोड येवन
हाताचेर, फाटीचेर पोपटे येवन
तातूंत जाल्लें उदक

ती कोमांत गेल्या उपरान्त
तिच्या बेसुद्धपणातच
जावंक लागले उपचार
दोतोर-नर्सिंची घिट्टी
तिच्या खाटी लागी
नाकांत ऑक्सिजनाची वादी
इंजेक्शनां वेगवेगळीं
ॲण्टीसेप्टीक आनी कसलीं कसलीं

सगले उपचार चलताले सांबाळून
ग्लुकोज सर लायत तर
शिरो फुटत ही भिरांत
ती वोगी पडलेली मरणावस्थेत

फातर कसो हांव पळयत उबो
सांगचे पडटा म्हजें म्हाकांच
'आरे ती म्हजी आवय मरे'
तिची दशा पळोवन रडपाकय येना
सगळोच मुको मार
तो दोतोर दोन फावटी
येवन गेलो आपल्या पंगडावांगडा
तिसरे फावट तो आयलो
तिचे सरी येवन ताणे चितचीत चितलें
खांदार घेतलेलो नवो ताल्ल कोट काडून
दवरलो कुशीकच्च्या खाटीर .
आनी तिच्या आंगाची जळलेली
फोड आयली कात

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No: 004090

लागलो काडपाक कातरून
फाटीची कातय काडली पोपटे जाली
थंय लायलें तांबडें तांबडें वखद
काती वचून ती जाली तांबडी धवशी
सोललेली मनीस कशी

निमाणी ताणे तिचे आंग निवळ करून
आपले दोळे धांपले हळूच
आनी आपलो काडून कोट नवो
ताणे तिच्या घातलो आंगार ...
धांपलें ताणे तिचे उक्तें आंग
काती गेल्लें ... वखद लायल्लें

म्हाकां भास जायत रावलो
कोटा भितर नवी कात
रोयतले काय?
कोटा सकयल तिका कात येवन
फुडें आंगभर वाडत कांय ?

खूब वर्सां जालीं हे गजालीक
आवय कांय त्या दुखण्यातल्यान वांचलीना
पूण तो दोतोर आनी ताचो कोट नवो
उल्ला म्हज्या काळजांत

सरकारी हॉस्पिटल

जल्मांत एक दीस तरी
सरकारी हॉस्पिटलांत रावचेंच रावचें
आनी दुसरे दीस,
प्राणाक दिवे लागलेले पळोवचेच पळोवचे

हांगा चलता जिवीत आनी मरणाचो संघर्ष
संघर्ष जगपाचो संघर्ष मरपाचोय
हांगा केन्ना पडटात मरणाच्यो हुयेली
तर केन्ना जगपाक फुलता हांशें
म्हणून म्हण्टां-
जल्मांत एक दीस तरी
सरकारी हॉस्पिटलांत रावचेंच रावचें
आनी हांगाच्या जिविताची रूच घेवंचीच घेवंची

हांगा हात नासलेल्याक येतात हात
पांय नासलेल्याक येतात पांय
कुड्ड्यांक दिसता पयशिल्लेंय
आनी भेड्ड्यांक कानांनी येता आयकूंक
मर्णाच्या आक्रंदना वांगडा
जातात बाळकांच्या जल्माचेय सुवाळे
म्हणून म्हण्टां -
जल्मांत एक दीस तरी
सरकारी हॉस्पिटलांत रावचेंच रावचें
आनी चैतन्याचो आत्मो
वावुरताना अणभवचोच अणभवचो

हांगा खिणाखिणाक
कराणाय वेदनांची, दुखांचो आगोर
मात, तातूंत व्हांवता
नर्सिंच्या हातांचो मायेचो पाझर
हांगा पावता तांची सेवाभावना
म्हणून म्हण्टां-
सगळो भरिभार तांचेर सोड

हांगा बसयतात
नवें आंग, मोडलेलें, भंगलेलें भायर काडून
हांगा काळीज गरजेन कापून
परत तेंच सारकें करून चलयतात
केन्ना केन्ना नवें मुत्रपींड बसयतात
म्हणून म्हण्टां-
हांगा सोडचें आंग पोन्ने भंगकें
चलोवचें राज्य नव्या रोपणांचे

WORLD KONKANI CENTRE
ग्रंथालय

हांगा चलता
मृत्यू आनी जिवनाचें
काळकाळाचें झूंज
ताचेर आसता वयर
दोतोरांचे प्रयत्न आनी उपचार
सकाळ उजवाडटाच
मडींय लेगीत चलपाक लागतात
जीव भरून
म्हणून म्हणटां–
रस्त्यावयल्या मड्याक लेगीत
हांगा हाडचें
ताच्या काळजाची चलोवपाक धडधड

जल्मांत एक दीस तरी
सरकारी हॉस्पिटलांत रावचेंच रावचें
आनी दुसरे दीस,
प्राणाक दिवे लागलेले पळोवचेच पळोवचे
आनी जिविताचीं गितां गांवचीच गावचीं

4090
P>KON
TEEK

तुकाराम रामा शेट हांची कार्यवळख

पुस्तकां

पाखलो (कादंबरी)
एक जुंवो जियेता (एकांकी)
पर्यावरण गितां (शिक्षणीक)
धरतरेचो स्पर्श (कथासंग्रह)
मनमळब (कविता संग्रह)

संकलन, संपादन आनी निर्मिती : शिक्षणीक पुस्तकां

गोंयची बालगितां, नाचगितां, खेळगितां -१
गोंयची बालगितां, नाचगितां, खेळगितां -२
बालांगण
गितभारती-१ (के. जी. पुस्तक)
गितभारती-२ (के. जी. पुस्तक)

ध्वनिफितीची निर्मिती (शिक्षणीक आनी हेर)

गोंयची बालगितां
कोंकणी बालगितां
जय भारता (देशभक्ती गितां)
गोंय म्हजें गायता (देशभक्ती गितां)
शेवण्या पिलो घोटेरांतलो (गोंयच्यो आल्लयो)

संपादन : नियतकालिकां

शब्दूल (१९७८-८०)
कोंकण टायम्स (२८ वर्सां)
'कोंकणी' वर्सुकी (८४-८५)

WORLD KONKANI CENTRE
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

तुकाराम रामा शेट हें नांव कोंकणी साहित्याच्या मळार नामनेचें. पयलीं संपादक, कवी, कथाकार, कादंबरीकार म्हण. गेल्या वर्सा ताणी आपलो दर्जेदार कथासंग्रह 'धरतरेचो स्पर्श' साहित्य अवकाशांत रूजू केला आनी आतां 'मनमळब' हो कवितासंग्रह.

मनमळबांतली कविता मनाच्या अवकाशाचो सोद घेता. अवकाशाच्या आंगाक अंतर्बाह्य सर्वस्पर्शी जावंक पळयता. ह्या अवकाशांत निरंतर आसतल्या काळखाक आनी अकस्मात केन्ना केन्नाय जाचें दर्शन मनाच्या अस्तित्वाक जाता ताचें दर्शनूय ते आपल्या काव्यात्म उतरांच्या आदारान सहज करून वयता. ह्या दर्शनासांगाता आसा एक सनातन काळोख. आनी तांका हो काळोख दिसपाक लागला. ताचें दर्शन तांका जावंक लागलां. ह्या काळखांतल्यान अस्तित्वाक येता हो आमचो संवसार. म्हणून राती वेळार येवपी काळोखच आमकां ब्रह्मांडाचें दूरदर्शन आमच्या मनांत घेवन येता. संवेदनांचीं असंख्य ल्हारां जीं ह्या सैमान मनशांक दिल्यांत तांचो सुगावो ह्याच काळखान दिला."मळब भरून काळोख उल्ला /नखेत्राच्या किर्णान तोलून धल्ला" असो दिश्टावो तांका जावन वयता तो हेचखातीर. म्हणूनच तांची कविता म्हण्टा, "पातळलेल्या शेकान शेक सांज सावळ्यांनी/पावलां घुस्पून वयतात/ काळखांत शेणटात/ काळोख ../ तो कितें .. / तो .... तो नाच / तो नाच " काळोख, सूर्य, नदर .. विश्व अशी हाची व्याप्ती जायत वयता.

सैमाचें दर्शन, मनशांचें दर्शन, आवयचें दर्शन तांणी एका आगळयाच प्रकारान केलां. धरतरेच्या स्पर्शातल्यानूय ह्याच अवकाशाक वेंगावपाचो यत्न केला आनी हे कवितेच्या माध्यमांतल्यान आपलें स्वताचें अशें साहित्यीक अवकाश प्रस्थापीत करपाक ही कविता यशस्वी जाता. देखून कोंकणी कवितेंत कांय खाशेल्या तासांची भर घालपी मनमळबाचें हांव उर्बेभरीत जावन स्वागत करतां. अभिरूची संपन्न वाचकाचें मन ती उमेदीन धोलयतली हातूंत मात्तूय दुबाव ना.

— रमेश भगवंत वेळुस्कार

कोंकण टायम्स पब्लीकेशन
बेती, बार्देश, गोंय - ४०३१०१